REGIONAL NEWS 30.06.2025 @ 7.20 PM

आयज ज्ञानाक तंत्रगिन्यानाच्या जोडपालवान नव्या पिढीक साकारुन विकसित भारत करपाची गरज आसा अशे केरळाचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हांणी म्हणला.

राजभवन अन्नदान' येवजण 29 जूनाक सकाळीं 11.30 वरांचेर राजभवनाच्या पोरन्या दरबार हॉलांत सुरू जाली.

प्रत्यकांनी आपल्या भलायकीची जतनाय घेवप गरजेचे आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हानी दिल्लीत केंद्रीय संरक्षणमंत्री राजनाथ सिंह आनी केंद्रीय वाणीज्य मंत्री पियुश गोयल हांची भेट घेतली

टेनिस खेळातलो तिसरो ग्रँड स्लॅम विम्बल्डन २०२५ आजसावन लंडननात सुरू जाता

Rashmi 140

भारत हो ज्ञानवंताचो देश, स्वातंत्र्यापयली ज्या परकीयांनी भारताचेर राज्य केले तांणी आमची संस्कृताय, पंरपराचे आघात केलो खरो पुण भारतीयांमदी आशिल्लया ज्ञानाचेंर ते आघात करुंक शकुंक ना, आयज ह्या ज्ञानाक तंत्रगिन्यानाच्या जोडपालवान नव्या पिढीक साकारुन विकसित भारत करपाची गरज आसा अशे केरळाचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हांणी म्हणला. ते गोंय विद्यापिठाच्या फांऊंडेशन डे

च्या कार्यावळीत उलयताले. गोंय वद्यापिठात संशोधनात्मक अभ्यास जावपाक जाय, हे खातीर गोंय विद्यापिठाचो मास्टर प्लान विद्यार्थी तशेचं गोंयकारांकडे सुचोवणी घेवन तयार करचो अशी सुचोवणी ह्यावेळार राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हांणी गोंय विद्यापिठाच्या प्रशासनाक केला.

राश्ट्रीय शिक्षण धोरणा हे देशाच्या मातयेकडे, संस्कृतायेकडे जोडील्ले शिक्षण जावन आसा, तातुल्यान एक बरी पिढी घडटली असो विस्वास राजेंद्र आर्लेकार हांणी ह्यावेळार व्यक्त केला.

गोंय विद्यापिठाच्या सभाघरात जाल्या कार्यावळीक गोंय विद्यापिठाचे कुलगुरु प्रा. हरीलाल बी. मेनन, तशेंच कुल सचिव एस. एन धुरी , विद्यार्थी , पालक , शिक्षक तशेच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

DIP/रश्मि 160

राजभवन अन्नदान' येवजण 29 जूनाक सकाळीं 11.30 वरांचेर राजभवनाच्या पोरन्या दरबार हॉलांत सुरू जाली. ही येवजण राज्यपाल पी. एस.श्रीधरन पिल्लई हाचो एक उपक्रम आसा , जाचे वरवीं राज्यपाल आपल्या पुस्तकांतल्यान मेळिली रकम उदात्त कामां खातीर दान करतले 'राजभवन अन्नदान' येवजणेचें उक्तावण मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांच्या हाजिरेंत केरळ राज्यपाल राजेंद्र विश्वनाथ आर्लेकार हाणी केले

हे शिवाय कीडणी डायलेसीस आनी केन्सराचे दुयेतींक मजत म्हण राज्यपालाच्या विवेकाधीन निधींतल्यान अर्थीक मजत दितले. दरेका दुयेंतीक 25 हजार रुपया मेळटले. गरजुंक अन्नदान करपी देशातले गोंय हे पयले राजभवन आसतले अशे ह्यावेळार कार्यावळीचे मानाचे

सोयरे आनी केरळचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हांणी म्हळा.राज्यपाल पी.एस श्रीधरन पिल्लय हे मनीसपणातल्यान गोंयकाचे वेगवगळे प्रस्न सुटावे करीत आसा,तांचेमदी समाजाची उदरगत करपाची तळमळ आसा.गोयचे राजभवन फकत राजभवन न्ही जाल्यार लोकभवन जाला अशे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हांणी म्हणला. गोंयचे राज्यपाल पी. एस श्रीधरन पिल्लय हांचे समाजात घडपी गजालीचेंर , तशेंचं संस्कृताय आनी लोकजीणेचेर खोलायेन अभ्यास करुन केल्ले लेख आसा . गोंयच्या बाबतीन तांणी बरयिल्ली पुस्तक फुडल्य पिळगेक मार्गदर्शन करपाक महत्वाची थारतली अशे हयावेळरा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.

रश्मि 120

गोंयांत पयली किडनीचो डायलेसिसचो दुयेती क्वचितच आसतालो , मात आत हया दुयेसांचे प्रमाण वाडला. हे फांटभुयेर प्रत्यकांनी आपल्या भलायकीची जतनाय घेवप गरजेचे आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.सरकार डायलेसिस उपचार विनाशुल्क दिता. गोडे मुताचे दुयेस आशिल्यानी कीडणी बरी दवरपाक जाय जाल्यार खास करुन आहाराचे पथ्य पाळचे, गोंयात केन्सराचे दुयेती लेगीत वाडटा अशे दिसुन आयला. आयुर्वेद उपचार पद्दती घेवन तशेंच दिनचर्या आनी ऋतुचर्या पाळुन संतुलित जीवनशैली आनी योग्य आहार घेत जाल्यार कॅन्सरासारखे दुयेसाचेर लेगीत मात जावपाक शकता

अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. ते पणजे एका शासकीय कार्यावळीत उलयताले.

SURVICAL CANCERचे दुयेस जावचे न्ही म्हण गोंयांतल्या वयात येवपी चलयांक HPV वाशिन दिवपाची मोहिम सरकारान चालीक लावची अशी सुचोवणी ह्या कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले केरळाचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हांमी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांका केली .

गणेश/RASHMI 140

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे तरेकवार खात्यांच्या कामां खातीर दिल्लीत आसा. दिल्लीत ताणी केंद्रीय संरक्षणमंत्री राजनाथ सिंह आनी केंद्रीय वाणीज्य मंत्री पियुश गोयल हांची भेट घेतली. गोंया खातीर निर्यात आदार घटमूट करपा विशीं ताणी चर्चा केली, आनी गोंयांतल्या शेतकी उत्पादनांची निर्यात वाडोवपा खातीर राज्यांत अपेडा कार्यालय स्थापन करपाची आनी चालीक लावपाचीय खाशेली विनंती केली. थळाव्या शेतकारांच्या उत्पादनाक बाजारपेठ दिवप तशेंच शेतकारांची पिकावळ उद्देगाखातीर raw material म्हण कशा पध्दतीन अन्न निर्मिती वा हेर वस्तुच्य निर्मितीखातीर उपेग करु येता ताचेविंशी चर्चा जाली. . मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज केंद्रीय संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांची दिल्लींत भेट घेतली. ह्यावेळार सत्तरी हांगा हेलिकॉप्टर इंजिन एमआरओ प्रायव्हेट लिमिटेड (एचई-एमआरओ) युनिट बेगीन सुरू करप, तशेंच पणजी आशिल्ले लश्कराचे कार्यालय आनी डेण्टंल कॉलेच स्थलांतरीत करपाविंशी चर्चा

जाल्याच म्हायती मुखेलमंत्र्यान ह्या भेटी उपरांत दिल्या. ती स्थलांतरीत केल्या उपरांत संबंधित बिल्डींगेंचो उपेग हेर भौशिक उपेगाखातीर करपाक मेळटलो अशी म्हायती आपणे मंत्री राजनाथ सिंह हांका दिल्याचे म्हणला.

DIP 120

राज्यपाल पी एस श्रीधरन पिल्लई हांणी तांच्या "खुशाल कल्याण यात्रा" उपक्रमा खाला आयज दक्षीण गोंयच्या केपे तालुक्यातल्या शेल्डे हांगाच्या श्री सातेरी शांतादुर्गा देवस्थान, तिळामळ हांगाची अवर लेडी ऑफ पुअर चर्च आनी जांबावलेच्या श्री दामोदर देवस्थानाक भेट दिली.

श्री सातेरी शांतादुर्गा देवस्थानात आमदार आनी आदले मंत्री. निलेश काब्राल सरपंच आनी थळावे पंच वांगडी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें

उपरांत राज्यपालान अवर लेडी ऑफ पुअर चर्चीक भेट दिली. फा. आल्ड्रिन डिकॉस्ता, आयडेन फर्नांडिस आनी डॅनरिच डिकॉस्ता उपस्थित आशिल्लें जांबावलेच्या श्री दामोदर देवस्थानात समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय आनी देवस्थान समितीचे अध्यक्ष मंजुनाथ दुकळे हांणी राज्यपालाक येवकार दिलो. "खुशाल कल्याण यात्रेत" राज्यपालान धार्मिक थळांक भेट दिवन गोंय आनी देशांत शांतीकाय, खुशालकाय आनी लोककल्याणा खातीर प्रार्थना केली. तशेंच भेट दिल्ल्या धार्मिक थळांक दर एक 50,000/- रूपयांचो चेक भेटयलो

महेश 230

खाशेल्या भुरग्यांक, ऑटिझम आशिल्ल्या भुरग्यांक (स्वकेंद्रीत भुरगीं) बरी कुशळटाय आसता, अशा भुरग्यांक तांच्या कुशळटाये प्रमाण शिक्षण दिवन समाजाच्या मुखेल प्रवाहांत हाडप गरजेचें आनी ह्या भुरग्यांक समान वागणूक दिवपाची गरज आसा अशें भाजपाच्या वैजकी खात्यान खाशेल्या भुरग्यां खातीर, ऑटिझम आशिल्ल्या भुरग्यां खातीर आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत उलयतना मानेस्तांनी सांगलें.

ह्या कार्यावळीचो हेतू स्पश्ट करतना भाजपाच्या वैजकी विभागाचे अध्यक्ष डॉ. मिलिंद देसाई हाणी सांगले की अंत्योदय म्हणजे समाजातील शेवटच्या घटकांमेरेन पावून त्यांचो  विकास घडोवन हाडप  हे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी  भाजपाचे ध्येय आसा. समाजांतल्या खाशेल्या भुरग्यांक, समाजाच्या मुखेल प्रवाहांत हाडप गरजेचें आसा.. हो संदेश दिवपा खातीर ही कार्यावळ घडोवन हाडल्या.

जीव-मरण कोणाच्याच हातांत ना. देवान सगळ्यांक कांय ना कांय कुशळटाय दिल्या. खाशेलीं भुरगीं, हाका आडवाद नात. आयज ह्या भुरग्यांक समाजांत समान वागणूक दिवपाची गरज आसा अशें आमदार दिगंबर कामत हांणी सांगलें.

खासा भुरग्यां खातीर, आशिल्ल्या मडगाव  हांगाच्या गुजराती समाज शाळेचे अध्यक्ष मुकेश सगलानी हांणी सांगलें, की गुजराती समाजान खाशेल्या भुरग्यां खातीर चलयल्ले शाळेंत ह्या भुरग्यांक गरजेचें शिक्षण दिवन तांची कुशळटाय वळखून तांची उदरगत करतात. भुरग्यांच्या कुशळटायेक चालना दिवन तांकां मुखेल प्रवाहांत हाडपाचे यत्न सुरू

आसात. तेच बरोबर खाजगी आस्थापनांनी भुरग्यांक सामावन घेवपाचे यत्न सुरू आसात.

महेश 60

शोराव फेरीबोटीच्या बचाव कार्याक आनीक 4 दीस लागूं येतात, बचाव कार्याक चड करून अडचणी येतात कारण ते उदकापोंदा काम करपी गोताखोर आसतात. चिखलाक लागून गोताखोरांक सरके दिसना पूण फेरीबोटीक वाचोवपाक आमी येसस्वी जातले. आनीक 4 दीस लागूं येतात आनी फुडल्या 4 दिसांनी आमी ती वाचवपाचो यत्न करतात. खर्च सुमार 25-30 लाख रुपया आसतलो अशे आरएनडी संचालक, विक्रमसिंह राजेभोसले हाणी सांगला

महेश 70

सरकारी मान्यताये उपरांत 10 दिसांनी रायबंदर-शोराव मार्गाचेर रो-रो फेरीबोटी सुरू जातली; पांदचारी आनी दोन चाकी वाहनांक फुकट प्रवास करपाक मेळटलो; चार चाकी वाहनांक 30 रुपया आनी पास आसलयार 15 रुपया शुल्क आकारतले. भाड्याची गाडी 100 रुपया, पर्यटकांच्या मालकीचीं वाहनां 300 रुपया; तर भोंवडेर येवपी पर्यटकांक दिसाक 50 रुपया शुल्क आकारतले; सरकारान ह्या दरांक मान्यताय दिल्या, फाल्यां अधिसुचोवणी जावपाची शक्यताय आसा अशी माहिती न्हंय येरादारी खात्याचे संचालक विक्रमसिंह राजेभोसले हाणी दील्या

Tenis 20

टेनिस खेळातलो तिसरो  ग्रँड स्लॅम विम्बल्डन २०२५ आजसावन लंडननात  सुरू जाता  १३ जुलै क दादल्यांच्या एकोडीच्या अंतिम फेरयेत त्याचा समारोप जातलो .

तापमान 60

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 32डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25.3 डिग्री नोंद जाला . राज्यात काय सुवातिनि व्हड प्रमाणात पावस पडू येता असो आदमास वेध शाळेन उकतायला